देवश्री कामत    राष्ट्रीय खबरो
23.06.2025 @ 6.30 pm

Prez 65

जग हवामान बदलाच्या संकटाचो फुड़ो करता आणि शाश्वतता ही आता एक घोषणा उरुंक ना तर ती एक गरज जाल्या अशे नवी दिल्लीत इन्स्टिट्यूट ऑफ कॉस्ट अकाउंटंट्स ऑफ इंडियाच्या राष्ट्रीय विद्यार्थी दीक्षांत समारंभ - २०२५ त राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मु हाणी म्हणले. विद्यार्थी आपल्या कुशळतायेन धरतरेच्या फुडारात व्हड बदल घडोवन हाडुक शकतात. इन्स्टिट्यूट ऑफ कॉस्ट अकाउंटंट्स ऑफ इंडियान भारतीय अर्थव्यवस्थेक आज जगातली सगळ्यात घटमुट करपाक महत्त्वपूर्ण भूमिका निभायल्या अशे राष्ट्रपतीन म्हणले.

मुखर्जी80

डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी हांच्या हुतात्मा दिसा निमित्त आज देश तांका आदरांजली ओपता. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी श्रद्धांजली ओपली. सोशल मीडिया पोस्टात मोदी हाणी म्हणले की, देशाची अखंडता अबाधित दवरपाक डॉ. मुखर्जी हाणी अतुलनीय धैर्य आणि प्रयत्न दाखयले. राष्ट्र उभारणीत त्यांचे अमूल्य योगदान सदाच आदरान मतीत उरतले.  भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जे.पी. नड्डा यांनी आज नवी दिल्लीत पक्ष मुख्यालयात डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जीच्या पुण्यतिथीनिमित्त त्यांका पुष्पांजली ओपली. तशेच उत्तर प्रदेशचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणीय डॉक्टर shyamaprasad मुखर्जी हंका श्रद्धांजलि ओपली आनी म्हणले की (byte)

शाह 90

घरमंत्री अमित शहच्या अध्यक्षतेखाला काल सांजे रायपूरात नक्षलवादाचो फुड़ो करपाविशी आढावो बसका झाली. छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, झारखंड आणि ओडिशा या डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकी प्रभावित सात राज्यांचे पोलिस महासंचालक, अतिरिक्त पोलिस महासंचालक आणि वरिष्ठ अधिकारी या बसकेत सहभागी जाल्ले. फुडल्या वर्सा ३१ मार्च मेरेन देश नक्षलवादा

पासून मुक्त जातलो, असो पुनरुच्चार शहा हाणी केला. आमचे सुरक्षा दल आपलयो कारवायो सुरू दवरतले. सुरक्षा दलांनी दाखयल्या शौर्याच्या आधारान आणि गुप्तचर संस्थांनी आखलेल्या अचूक रणनीतींच्या आधारान सरकार फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन देशाक नक्षल समस्येपासून मुक्त करपाचे ध्येय निश्चितपणान साध्य करतले अशे शाह हाणी म्हणले

जयशंकर 80

कनिष्क बॉम्बस्फोटाच्या ४० व्या वर्धापन दिसानिमित्त, परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी या हल्ल्यात मरण आयिल्यांक श्रद्धांजली ओपली आणि हे दहशतवादी हल्ल्यातले सगळ्यात वायट कृत्यांपैकी एक आशिल्याचे म्हणले. एकुणीसशे पंचायशात याच दिसा, कॅनडातल्या मॉन्ट्रियल सावन लंडन आणि उपरांत नवी दिल्ली वचपी एअर इंडियाच्या फ्लाईट १८२ त कॅनडास्थित खलिस्तानी दहशतवाद्यांनी केल्या भ्याड दहशतवादी कृत्यान आयर्लंडच्या दर्यादेगे लागसर अटलांटिक महासागरात हवेत स्फोट जालो. या हल्ल्यात ३२९ निष्पाप प्रवाशांक मरण मृत्यू आयले, जातुन कॅनेडियन आणि हेर परदेशी नागरिक तशेच भुरग्यां सयत कितलेशाच भारतीय नागरिकांचो आसपाव आशिल्लो

Odisa 60

गंजम जिल्ह्यात गोपाळपूर दर्यादेगेर एका महाविद्यालयीन विद्यार्थिनीचेर जाल्या सामूहिक बलात्काराच्या खबरेविशी राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोग N H R C न ओडिशाचे मुख्य सचिव आणि पोलिस महासंचालकांक नोटीस धाडल्या. माध्यमांच्या वृत्तांची स्वतःहून दखल घेत आयोगान दोन सप्तका भितर सविस्तर अहवाल मागला. माध्यमांच्या वृत्तातलो मजकूर मानवी हक्कांच्या उल्लंघनाचो गंभीर मुददो उपस्थित करता अशे आयोगाचे निरीक्षण आसा. या प्रकरणात पोलिसांनी सात संशयितांक ताब्यात घेतल्या

IMD 60

भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र, नागालँड, मणिपूर, आसाम आनी बिहाराचेर काय सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास काडला.

हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब आनी उत्तर प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्‌दाख, झारखंड, केरळ आनी माहे हांगा काय सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास आसा. वायव्य भारतांत 26 जून मेरेन गडगड आनी वारे व्हावुन हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान म्हणला.

स्पोर्ट्स 40

थायलंडांत जाल्ले आशियाई पॅरा-बॅडमिंटन चॅम्पियनशिप 2025 सर्तींत भारतीय शटलरांनी 27 पदकां मेळयलीं. ह्या पदकांत चार भांगरा, 10 रुप्या आनी 13 कांस्य पदकांचो आस्पाव आशिल्लो. हाका लागून ह्या सर्तींत देशाची सगळ्यांत बरी कामगिरी जाली. ही सर्त थायलंडांत ह्या म्हयन्याचे 17 ते 22 मेरेन जाली.